<u>**समुद्री जीवनाचेर प्रस्नोत्तरी सर्त**</u>

ता. 10 ऑगस्ट 2017

19 श्रावण 1939

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयाच्या दर्या उत्पादन निर्यात उदरगत प्राधिकरणान समुद्री जीवसृश्टीचेर प्रस्नोत्तरी सर्तीचे आयोजन केला. दिसपट्टे जीणेत नुस्त्या उत्पादनाचे म्हत्व आनी नुस्त्या उत्पादन निर्यातीतल्यान राष्ट्रीय अर्थवेवस्थेक मेळपी योगदाना बाबतीत जाग्रुताय करपाच्या उद्देशान आयोजित केल्ल्या ह्या प्रस्नोत्तरी सर्तींत 60 टक्के प्रस्न नुस्तेमारी उद्देगाचेर आनी 40 टक्के प्रस्न सामान्य गिन्यानाचेर आसतले.

ही सर्त 8 वी ते 12 वी इयत्तेच्या विद्यार्थ्यांखातीर राष्ट्रीय पावंड्याचेर घेतात. ह्या सर्तीची मुळावी फेरी ता. 12 ऑगस्ट 2017 दिसा गोंया सयत हेर राज्यातल्या केंद्रानी घेतले. सर्तीची उपांत्य आनी अंतीम फेरी कोची केरळ हांगा 24 ऑगस्टाक जातली. सर्तीच्या पयल्या तीन जैतवंताक 25 हजार, 15 हजार आनी 5 हजाराचे बक्षीस दितले.

गोंयात सर्तीची मुळावी फेरी ता. 12 ऑगस्ट 2017 दिसा मांडवी हॉल, इंटरनॅशनल सेंटर दोनापावला हांगा घेतले. गोंयातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी आपलो दोन सर्तकांचो एक तरी पंगड मुळाव्या फेरयेखातीर धाडचो.

सर्तींत भाग घेवपाखातीर उपसंचालक, समुद्री उत्पादन निर्यात उदरगत प्राधिकरण, फ्लॅट नं. एक्स-1 चौथो माळो, जयराम कॉम्पलेक्स नेवगी नगर मळा पणजी हांगा नाव नोंदणी करची. चड माहिती खातीर 0832-2970283 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो वा sro.goa@mpeda.gov.in, srogoampeda@gmail.com संकेत थळार पळोवचे.